**गोंय लोक सेवा आयोग**

ईडीसी हावस, ब्लॉक 'सी',1लो मजलो, दादा वैद्य रोड, पणजी, गोंय – 403001.

संकेतथळः http://gpsc.goa.gov.in

**जायरात क्रमांक . 5 वर्स 2025**

**09/05/ 2025 दिसा प्रकाशीत**

सकयल दिल्ल्यां पदां खातीर ऑनलायन अर्ज मागयतात.

**प्रतिनियुक्तीचेर बदली केल्लीं पदां सोडून हेर सगळ्या पदां खातीर अर्ज भरपाची निमाणी तारीख 23-05- 2025 आसा.**

**फकत प्रतिनियुक्तीचेर बदली रुपान पदांचे अर्ज भरपाची निमाणी तारीख 23-06- 2025 आसा.**

ऑनलायन अर्ज करपा खातीर आयोगाचें संकेतथळ https://gpsc.goa.gov.in वा गोंय सरकारचें पोर्टल https://cbes.goa.gov.in. चेर पळोवचें.

ऑनलायन अर्ज भरचे पयलीं, उमेदवारांनी आयोगाच्या संकेतथळार उपलब्ध आशिल्ल्यो "सुचोवण्यो" जतनायेन वाचच्यो.

2. वेवसायीक महाविद्यालयां आनी भलायकी सेवा संचालनालयांत सल्लागार ह्या गट 'ए' पदां खातीर, कोंकणीचें गिन्यान आशिल्ले योग्य उमेदवार उपलब्ध नासल्यार, हेर तरेन योग्य आशिल्ल्या उमेदवारांची शिफारस गोंय लोक सेवा आयोग करूंक शकता आनी ही अट सदळ करप गरजेचें वा ताकतिकेचें अशें सरकाराचें मत आसल्यार, गोंय लोक सेवा आयोगाचे शिफारशीचेर सरकार ही अट सदळ करूंक शकता.

3. विहीत शिक्षणीक पात्रताय ही फकत किमान पात्रताय आसा आनी फकत ही पात्रताय आसली म्हूण उमेदवार मुलाखतीक आपोवपाक पात्र आसतलेच अशें ना. अर्जांची संख्या चड आसल्यार, **"सुचोवण्यांत"** नमूद केल्ल्या प्रमाणें आयोग मुलाखतीक आपोवंक उमेदवारांची लघू वळेरी तयार करतले.

**टीप:1)** अर्ज योग्य रितीन भरल्या उपरांत, उमेदवारांनी सकयल दिल्ल्या प्रमाणें, अर्ज शुल्क भरचें पडटलें.

ए) **ऑनलायन**

- ऑनलायन फारीकणी करची.
- यशस्वी स्थिती दाखोवपी ई- पावती डावनलोड करची.

**बी) ऑफलायन**

- ई- चलन निर्माण करचें.
- गोंयांत आशिल्ल्या खंयच्याय एसबीआय फांट्यांत फकत निमाणे तारखेक वा ताचें आदीं रोख फारीकणी करची (ई- चलनाची वैधताय ई-चलन निर्माण जाल्या उपरांत सात दीस मेरेन आसतली)
- ह्या ई- चलनाचेर बँकेचो शिक्को गरजेचो आसा.
- अर्ज सादर करपाचे निमाणे तारखेक वा ताचे आदीं आयोगाच्या कार्यालयांत शिक्को मारिल्लें ई- चलन सादर करूंक जाय.

2) फारीकणी यशस्वी जाल्या उपरांतूच उमेदवारांक आपलो अर्ज डावनलोड करूंक मेळटलो.

3) निमाणे तारखे उपरांत शुल्क फारीक केल्लो अर्ज, रोखडोच न्हयकारतले आनी हे फारीकणीचो परतावो जावचो ना.

4) अर्जांत उमेदवाराचो ईमेल नामो आनी मोबायल क्रमांक चुकय नासतना दिवंक जाय. आयोग उमेदवारांच्या अर्जां संबंदीत सगळे संपर्क ईमेल नाम्याचेर/मोबायल क्रमांकांतल्यान धाडटले. सगळ्या उमेदवारांक तांच्या अर्जा संबंदीत अद्यावत/ कळोवणी खातीर तांचीं ईमेल/खातीं/ मोबायल फोन/आयोगाचें संकेतथळ नेमान तपासपाचो सल्लो दितात.

**टिप: जायरातीचे अणकारीत आवृत्तींत इंग्लीश आवृत्ती परस खंयच्योय विसंगती दिसल्यो जाल्यार इंग्लीश प्रत प्रमाणीत मानतले.**

## I. भौशीक भलायकी खातें

### भलायकी सेवा संचालनालय (Directorate of Health Services)

### प्रतिनियुक्तिचेर बदली वरवीं

**प्रतिनियुक्तीचेर बदली वरवीं, वरिश्ठ शल्यचिकित्सक (Senior surgeon, by transfer on Deputation) ..... 2 पदां (अन-आरक्षीत) (5वे फावटी)**

**वेतन श्रेणी:** रू.15,600-39,100+6,600/- (पूर्व-सुदारीत) (सुदारीत वेतन मॅट्रिक्स टप्पो 11 प्रमाणें)

**शिक्षणीक आनी हेर पात्रताय:-**

**आवश्यकः** केंद्र /राज्य सरकाराच्या प्रशासनाचे अधिकारी

(a) (i) नियमीतपणान समान पद सांबाळळां; वा

(ii) रू. 8000-275-13500 (पूर्व-सुदारीत) श्रेणींत 5 वर्सांचे नियमीत सेवे सयत आनी

(b) थेट भरती खातीर निर्धारीत केल्ली शिक्षणीक पात्रताय आनी अणभव आसप गरजेचो म्हणल्यार,

(i) भारतीय वैजकी मंडळ अधिनेम, 1956 (1956 चो 102) चे पयले वा दुसरे वळेरींत वा तिसरे वळेरीच्या भाग II (सनद पात्रताय सोडून) हातूंत आसपावीत केल्ल्या प्रमाणें मान्यताय प्राप्त वैजकीय पात्रताय. तिसऱ्या परिशिश्टाच्या भाग II प्रमाणें शिक्षणीक पात्रताय आशिल्ल्यांनी भारतीय वैजकी मंडळ अधिनेम, 1956 च्या कलम 13 पोट- कलम (3) त दिल्ल्यो अटी पुराय करूंक जाय. (ii) पदव्युत्तर पदवी नासल्यार, त्या क्षेत्रांतली विशेश पदविका. (iii) आवश्यक पदव्युत्तर पदवी मेळयल्या उपरांत खासा- विशेशतायेच्या विशयांत उण्यांत उणीं तीन वर्सां वावर करूंक जाय वा पदव्युत्तर पदविका मेळयल्या उपरांत 5 वर्सां कामाचो अणभव आसूंक जाय.

(iv)कोंकणीचें गिन्यान आसूंक जाय.

**ऐच्छिक :**–मराठीचें गिन्यान आसूंक जाय.

<u>थेट भरती वरवीं</u>

**कनिश्ठ शल्यचिकित्सक (Junior Surgeon) ..... 1 पद (हेर मागास वर्गीयां खातीर आरक्षीत) (4थे फावटी)**

**वेतन श्रेणी:** रू.15,600 – 39,100 + 5,400 (पूर्व-सुदारीत) (सुदारीत वेतन मॅट्रिक्स टप्पो 10 प्रमाणें) पिराय- 45 वर्सां परस चड आसूंक जायना.

**शिक्षणीक आनी हेर पात्रताय:-**

**आवश्यक:** (i) भारतीय वैजकीय मंडळ अधिनेम, 1956 (1956 चो 102) चे पयले वा दुसरे वळेरींत वा तिसरे वळेरीच्या भाग II ( सनद पात्रताय सोडून) हातूंत आसपावीत केल्ल्या प्रमाणें मान्यताय प्राप्त वैजकीय पात्रताय. तिसऱ्या परिशिश्टाच्या भाग II प्रमाणें शिक्षणीक पात्रताय आशिल्ल्यांनी भारतीय वैजकीय मंडळ अधिनेम, 1956 च्या कलम 13 पोट कलम (3)त दिल्ल्यो अटी पुराय करूंक जाय. (ii) पदव्युत्तर पदवी नासल्यार, त्या क्षेत्रांतली विशेश पदविका. (iii) पदविका धारकांक, पदव्युत्तर पदविका मेळयल्या उपरांत संबंदीत विशेशतायेंत जापसालदारकेच्या पदाचेर 2 वर्सां काम केल्ल्याचो अणभव. (iv) कोंकणीचें गिन्यान आसूंक जाय.

**ऐच्छिक :–** मराठीचें गिन्यान.

## II. उच्च शिक्षण संचालनालय

### सरकारी महाविद्यालय

(i) वाणिज्य शाखेंत सहाय्यक प्राध्यापक (Assistant Professor in (i) Commerce)

..... 6 पदां (हेर मागास वर्गीयां खातीर 2 पदां आरक्षीत, अनुसुचीत जमाती खातीर 4 पदां) (6वे फावटी)

वेतन श्रेणी: रू.15,600-39,100+6,000/- (पूर्व-सुदारीत) (सुदारीत वेतन मॅट्रिक्स टप्पो 10 प्रमाणें)

पिराय : 45 वर्सां परस चड आसूंक जायना.

**शिक्षणीक आनी हेर पात्रताय:-**

**आवश्यक:** (i) पदव्युत्तर पदवी पांवड्यार बऱ्या शिक्षणीक वावरा सयत संबंदीत विशयांत 55%* गूण वा तत्सम श्रेणींत भारतीय विद्यापिठांतल्यान वा विदेशी विद्यापिठांतल्यान तत्सम पदवी. (ii) सहाय्यक प्राध्यापकाचे नेमणुकी खातीर राष्ट्रीय पात्रताय परिक्षा (NET)/ राज्य स्तरीय पात्रताय परिक्षा (SET) सक्तीची आसतली: तशेंच, विद्यापीठ अनुदान आयोग नियमन 2009 चे मान्यतायेन (पीएच.डी पदवी मेळोवपा खातीर किमान प्रमाणन आनी प्रक्रिया) पीएच.डी पदवी प्रदान केल्ल्या उमेदवारांक, म्हाविद्यालयांत तत्सम स्थान वा सहाय्यक प्राध्यापकाची नेमणूक आनी भरती खातीर NET/ SET ची किमान पात्रताय अटीचे आवश्यकतायेची सूट दितले. (iii) कोंकणीचें गिन्यान आसूंक जाय.

ऐच्छिकः (i) संबंदीत विशयांत पीएच.डी वा ऍम.फील (ii) मराठीचें गिन्यान आसूंक जाय.

*पात्रतायेच्या उद्देशान आनी अध्ययन पदाचेर थेट भरती वेळार बऱ्या शिक्षणीक वावराचें मुल्यांकन करूंक अनुसुचीत जाती (SC) / अनुसुचीत जमाती (ST) / हेर मागास वर्गीय (OBC) / दिव्यांग वर्गीयां खातीर पदवीधर आनी पदव्युत्तर पांवड्यार 5% सूट दिवंक शकता.

## III. गोंय पुलीस खातें

फॉरेन्सीक विज्ञान प्रयोगशाळेंत वैज्ञानीक सहाय्यक सह फोटोग्राफर (Scientific Assistant cum photographer in Forensic Science Laboratory) ..... 01 पद (अन-आरक्षीत)

(6 वे फावटी)

वेतन श्रेणीः सुदारीत वेतन मॅट्रिक्स टप्पो- 6 प्रमाणें

पिरायः 45 वर्सां परस चड आसप ना.

शिक्षणीक आनी हेर पात्रतायः-

आवश्यक: (i) मान्यताय प्राप्त विद्यापिठांतल्यान उण्यांत उणी दुसरे श्रेणींतल्यान विज्ञानांत पदवी. (ii) मान्यताय प्राप्त संस्थेंतल्यान फोटोग्राफींत पदविका वा आधुनीक फोटोग्राफींत प्रमाणपत्र अभ्यासक्रम (सर्टिफिकेट कोर्स). (iii) कोंकणीचें गिन्यान.

ऐच्छिक :– (i) संगणकाचें गिन्यान (साक्षर) आसूंक जाय. (ii) मराठीचें गिन्यान.

2. फॉरेन्सीक विज्ञान प्रयोगशाळेंत विज्ञानीक अधिकारी (डीएनए) (Scientific Officer (DNA) in Forensic Science Laboratory) …… 1 पद (अन-आरक्षीत)

वेतन श्रेणीः सुदारीत वेतन मॅट्रिक्स टप्पो- 10 प्रमाणें

पिरायः 45 वर्सां परस चड आसूंक जायना.

शिक्षणीक आनी हेर पात्रतायः-

**आवश्यक:** मान्यताय प्राप्त विद्यापिठांतल्यान सुक्ष्मजीवशास्त्र/ जननशास्त्र/ प्राणीशास्त्र/ जैवतंत्रज्ञान शास्त्रांत पदव्युत्तर पदवी/ प्राणीशास्त्रा सयत न्यायालयीन विज्ञान ह्या विज्ञानांत पदवी पांवड्यार एक विशय घेतिल्लो आसूंक जाय. (2) राज्य/केंद्रीय न्यायालयीन विज्ञान प्रयोगशाळेंत संबंदीत क्षेत्रांत पांच वर्सांचो अणभव. (3) संगणकाचें गिन्यान (4) कोंकणीचें गिन्यान.

(5) शारिरीक मानकां:

(i) संबंदीत क्षेत्रांत काम करूंक शारिरीक दृश्टीन योग्य आसूंक जाय.

(ii) उमेदवारा कडेन ओक्ला सयत/ओक्ला नासतना पयशिल्लें/ लागींचें पळोवपाचे सकयल दिल्ले मानक आसूंक जायः

| पयशिल्ल्या अंतराची नदर | |
|---|---|
| उजवो दोळो | दावो दोळो |
| 6/6 | 6/6 (स्नेलॅन) |

| लागीच्या अंतराची नदर | |
|---|---|
| उजवो दोळो | दावो दोळो |
| 0.5 | 0.5 (स्नेलॅन) |

टीपः दर एका दोळयाक पुराय दृश्टी आसूंक जाय. एककोशिकीय नदर (एकदृश्टी पळोवप), मंददृश्टी, रंग कुडेपण/रंग अंधता, दोळे धुंवडावप वा दोळयांची वा खंयच्याय दोळयाच्या पापणीची खंयचीय दुयेंसाची स्थिती आनी छिद्रीत कानाचो पड्डो आशिल्ल्या उमेदवारांक, अपात्र थारले अशे मानतले.

ऐच्छीकः (i) मराठीचें गिन्यान.

## IV. बंदर कप्तान खातें

**सागरी अभियंतो आनी जहाज सर्वेक्षक** (Marine Engineer and Ship Surveyor)

...... 1 पद (अन-आरक्षीत)

**वेतन श्रेणी:** सुदारीत वेतन मॅट्रिक्स टप्पो 11 प्रमाणें

पिराय : 45 वर्सां परस चड आसूंक जायना.

**शिक्षणीक आनी हेर पात्रताय:-**

**आवश्यकः** (i) वेपारी जहाज अधिनेम, 1958 (1958 चो 44वो केंद्रीय अधिनेम,) अंतर्गत जारी केल्लो प्रथम श्रेणी (पयलो वर्ग) अभियंतो म्हूण योग्यतायेचें प्रमाणपत्र (मोटर) आसूंक जाय.

(ii) परदेशांत वचपी/घरगुती वेपारी जहाजांचेर 2री श्रेणी अभियंतो म्हूण 3 वर्सांचो अणभव.

(iii) वैजकीय मंडळा कडल्यान फॉर्म व्हिजन आनी कलर व्हिजनांत दृश्टी चांचणी प्रमाणपत्र

(iv) कोंकणीचें गिन्यान.

**ऐच्छीकः** (i) अंतर्देशीय जहाज अधिनेम, 1917 (1917चो केंद्रीय अधिनेम 1), वेपारी जहाज अधिनेम, 1958 (1958चो 44वो केंद्रीय अधिनेम) आनी भारतीय बंदर (पोर्ट) अधिनेम, 1908 (1908 चो 15वो केंद्रीय अधिनेम)चे गिन्यान आसूंक जाय. (ii) मराठीचें गिन्यान.

## V. आदिवासी कल्याण संचालनालय

**जिल्लो कल्याण अधिकारी (District Welfare Officer) ..... 1 पद (अन-आरक्षीत)**

**वेतन श्रेणी:** सुदारीत वेतन मॅट्रिक्स टप्पो 6 प्रमाणें

पिराय : 45 वर्सां परस चड आसूंक जायना.

**शिक्षणीक आनी हेर पात्रताय:-**

**ऐच्छीकः** (i) मान्यताय प्राप्त विद्यापिठांतल्यान समाज सेवा वा समाज कल्याण वा सामाजीक कार्यकर्तो वा समाजशास्त्रांतली पदवी वा तत्सम.

(ii) सरकारी खातें/निम्म सरकारी संघटणेंत संबंदीत क्षेत्रांत पांच वर्सांचो अणभव.

**वा**

(i) नोंदणीकृत समाजीक संघटणेंतल्यान संबंदीत क्षेत्रांत पांच वर्सांचो अणभव.

(ii) कोंकणीचें गिन्यान

**ऐच्छीकः** (i) मराठीचें गिन्यान.